**मुख्यमंत्र्याच्या हस्तुकीं गृह आधार येवजणेच्या लावधारकांक मंजूरी पत्रांचे वाटप**

ता. 14 सप्टेंबर 2023

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्री श्री. विश्वजित राणे हांणी आयज मडगांवच्या रवींद्र भवनात आयोजीत कार्यक्रमात दक्षीण गोंय जिल्ह्यातल्या 3000 गृह आधार येवजणेच्या लावधारकांक मंजूरी पत्रांचे वाटप केले.

गृह आधार ही बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयामार्फत राबोवपात येवपी येवजण आसून कुटुंबांतल्या सगळ्या गृहिणींक आर्थिक आदार दिवन तांका आपल्यो गरजो पुर्ण करपाक आनी कुटुंबाचे जीवनमान सुदारपाक मदत करप हो ह्या येवजणेचो उद्देश आसा. ह्या येवजणेच्या लावधारकांक प्रत्येक म्हयन्याक 1500/- रूपया आर्थिक मदत दितात.

कार्यक्रमात उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, आयज रवींद्र भवन, मडगांव आनी रवींद्र भवन, सांखळी हांगा मेळून नवीन 11 हजार लावधारकांक गृह आधार येवजणेची मंजूरी पत्रां भेटोवपात येतली आनी ह्या येवजणेच्या लावधारकांची संख्या 1,50,000 चेर पावतली. गृह आधार आनी दयानंद सामाजिक सुरक्षा येवजण मेळून 3 लाखां परस चड कुटुंबांक लाव मेळटा. सगळ्या 3 लाख लावधारकांक ऑगस्ट 2023 मेरेनची आर्थिक मदत दिल्या. अशें तांणी सांगलें. प्रत्येक म्हयन्याची मदत आधार नंबराक जोडिल्ल्या लावधारकांच्या बँक खात्यात जमा जाता, अशें तांणी सांगलें.

तशेंच कृशी येवजण अनुदान, नुस्त्या वेवसाय अनुदान, दूद वेवसाय अनुदान, शिश्यवृत्ती अशां येवजणांची आर्थिक मदत लेगीत आतामेरेन मंजूर केल्याचे सांगून सप्टेंबर म्हयन्यात राज्यातल्या लोकांच्या सामाजिक कल्याणाखातीर सुमार 300 कोटी रुपये दिल्ल्याची म्हायती तांणी दिली. सरकारान गॅस सिलिंडराचो दर 200 रूपयांनी कमी केला आनी दारिद्र्येरेशे सखयल्या वर्गाखातीर आनीक 200 रूपयां कमी केल्यात, अशेंय तांणी सांगलें.

गोंय राज्याक स्वयंपूर्ण करपाखातीर पंचायत पांवड्यार अनेक येवजणो सुरू करपात येतात. चतुर्थी e-bazar.com हो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या "वोकल फॉर लोकल" ह्या संकल्पनेक चालना दिवपी एक उपक्रम आसून लोकांनी चवथीच्या काळांत आपल्या गरजेची अन्न उत्पादनां, हस्तकला आनी हेर घरगुती वस्तूंची ऑर्डर दिवची, असो उलो मुख्यमंत्र्यान मारलो.

गोंय राज्य खंयच्याच क्षेत्रांत फाटी नाशिल्ल्याचे सांगून लोकांचे सहकार्य म्हत्त्वाचे आशिल्ल्याचें तांणी सांगलें. स्वयंपूर्ण 2.0 ह्या संकल्पने खाला स्किलिंग, रिस्किलिंग आनी अपस्किलिंगाक बरो प्रतिसाद मेळटा. बायलांनी आपल्याक जाय तसले प्रशिक्षण घेवपाक फुडें येवचे, अशें तांणी सांगलें. सरकारान राज्यांतल्या लोकांच्या विकासाचेर लक्ष केंद्रित केल्ले आसून राज्याचो निर्देशांक लेगीत वाडिल्लो आसा. प्रधानमंत्र्यांचे “नव भारताचे” उद्दीश्ट स्वयंपूर्ण गोंयच्या सहकार्यान पूर्ण जातले, अशेंय तांणी सांगलें.

मंत्री श्री विश्वजित राणे सांगलें, सरकार लोकांच्या कल्याणाखातीर अनेक येवजणांची अंमलबजावणी करता आनी लावधारकांक अशां येवजणांची आर्थिक मदत दिवपा खातीर सरकाराक बरीच कसरत करची पडटा. राज्यातल्या प्रत्येक घटकाक येवजणाचो लाव मेळचो, हे खातीर सरकारचे प्रयत्न आसता. गोंय हे हेर राज्यांखातीर आदर्श राज्य आसून राज्यान शिक्षण, भलायकी आनी हेर मळार उत्कृश्ट प्रगती केल्ली आसा, अशें तांणी सांगलें.

समाजकल्याण मंत्री श्री सुभाष फळदेसाय,  वीजमंत्री सुदिन ढवळीकर, आमदार श्री दिगंबर कामत, श्री आलेक्स सिक्वेरा, श्री आलेक्स रेजिनाल्ड, श्री उल्हास तुयेकर, बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयाच्यो संचालक श्रीमती संगीता परब , उपसंचालक श्रीमती ज्योती देसाय आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

सुरवातीक संचालक श्रीमती संगीता परब हांणी येवकाराचे उलवप केले. कु. सिद्धी शेलार हांणी येवकार गीत म्हणलें. श्रीमती सिद्धी उपाध्ये हांणी सूत्रसंचालन केले. निमाणे उपसंचालक श्रीमती ज्योती देसाय हांणी उपकार  मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/726

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.